०३.०२.०२०२५ सकाळी 8.40 वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र प्रादेशिक खबरा विभाग - राष्ट्रीय खबरो

- दिल्ली विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचार करपाचो आयज निमाणो दीस. भाजपा, आप आनी कॉंग्रेसीच्या फुडारी आनी स्टार प्रचारकांवरवी मतदारांक लोभोवपा खातीर शारभर रोडशो, घरा कणकणी प्रचार आनी भौशीक बसका सुरू आसात. वट्ट 699 उमेदवार वेचणूक रिंगणांत आसात. 70 वांगड्यांच्या दिल्ली विधानसभेची वेंचणूक बुधवारा जातली, आनी शेनवारा मतांची मेजणी जातली. दिल्लींत भाजपा, आम आदमी पार्टी आनी कॉंग्रेस हांचे मदीं वेंचणुकेंत तिहेरी सर्त दिसता. एक कोटी 56 लाखां वयर मतदार आपलो वेंचणूक मताधिकार वापरून उमेदवारांचें नशीब थारावपाचे आसात. राष्ट्रीय राजधानींतल्या 13 हजार सातशें साठ मतदान केंद्रांनी मतदान जातलें. वेंचणुकेंत मतदारानी वांटो घेवपा खातीर वेंचणूक आयोग मतदारांक अनुकूल अशे वेगवेगळे उपाय आपणायता. मतदान अणभव सोपो आनी सरळ करपा खातीर रांक वेवस्थापन सोल्युशन, क्यूएमएस ॲप सुरू केला. मतदानाच्या दिसा सुरक्षा सुनिश्चीत करपा खातीर 35 हजारां परस चड दिल्ली पुलीस कर्मचारी, 19 हजार होमगार्ड आनी 220 CAPF कंपनींची नेमणूक करतले.

- वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक, 2024 विशींच्या संयुक्त समितीचो अहवाल आयज लोकसभेंत सादर करपाचो आसा. वक्फ (दुरुस्ती) विधेयकाचेर संयुक्त संसदीय समितीचे अध्यक्ष जगदंबिका पाल भाजपा खासदार संजय जयसवाल हांचे वांगडा वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक, 2024 विशीं संयुक्त समितीचो अहवाल सादर करतले. तशेंच संयुक्त समिती मुखार दिल्ल्या पुराव्यांचो नोंद ते सादर करतले. हो अहवाल 30 जानेवारी 2025 दिसा लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला कडेन सादर केल्लो. जेपीसीन वक्फ दुरुस्ती

विधेयकांत दुरुस्ती करून 29 जानेवारीक अहवालाचो मसुदो तयार केल्लो. पूण विरोधी फुडाऱ्यांनी अहवालाचेर आपल्यो असहमतीच्यो नोंदी सादर केल्यो. हाचे आदीं जेपीसीन वक्फ विधेयक, 1995 च्या 14 कलम आनी कलमां सयत 25 दुरुस्त्यांक मान्यताय दिल्या. संसदेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन 31 जानेवारी सावन सुरू जालें आनी तें 4 एप्रील मेरेन चालू आसतलें.

- उत्तर प्रदेशांतल्या प्रयागराजांत वसंत पंचमी निमतान महाकुंभाचे तिसरे अमृत स्नान सुरू आसा. अमृत स्नान हो महाकुंभमेळ्यातलो सगळ्यांत म्हत्वाचो आनी पवित्र विधि आसा. पयली दोन अमृत स्नाना मकर संक्रांती दिसा 14 जानेवारीक आनी मौनी अमावस्येनिमतान 29 जानेवारीक जाली. 13 आखाड्यांमदीं दरेका आखाड्याक ताचो थारायिल्लो वेळ आनी क्रम कळयला. महानिर्वाणी पंचायती आखाडा आनी शंभू पंचायती अटल आखाडा हे आयज सकाळीं त्रिवेणी संगमांत पवित्र स्नान घेवपी पयले आखाडे आसतले. सुरक्षा सुनिश्चीत करपा खातीर निमलष्करी दळां सयत 50 हजारां वयर पुलीस कर्मचाऱ्यांक नेमल्यात. उत्तर प्रदेश सरकारान घटमूट सुरक्षा येवजण चालीक लायल्या आनी महाकुंभाच्या मेळो वाठाराक वाहनमुक्त आणि व्हीआयपीमुक्त वाठार अशें थारायलां. संवसारांतलो सगळ्यांत व्हडलो धर्मीक मेळावो म्हणून मान्यताय मेळिल्लो महाकुंभ मेळावो 13 जानेवारी सावन सुरू जाली आनी आतां मेरेन 35 कोटी परस चड भक्तांनी संगमांत पवित्र स्नान केला.

- देशांत लाखांनी बेकायदेशीर स्थलांतरीत जावंक शकनात आनी लोकसंख्येच्या विस्थापनांक लागून वेंचणुकेचें राजकारण अडचणींत पडूंक दिवंक शकना अशें उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हाणी सांगलां. तांणी तरणाट्यांक राष्ट्रविरोधी कथन निश्क्रीय करपाचें आवाहन केलां.

- संसदेंत सेगीत येवपी व्यत्यययांविशीं राज्यसभेचे अध्यक्ष जगदीप धनखर हाणी हुस्को उक्तायला.

- अस्तित्वांतल्या आव्हानांचो तरणाट्यांनी हुस्को करचो अशे काल राष्ट्रीय राजधानींत भारतीय चार्टर्ड एकाउंटंट संस्थेन आयोजीत केल्ले वर्ल्ड फोरम ऑफ अकाउंटंट (डब्ल्यूओएफए) परिशदेंत उलयतना तांणी सांगलें. देशाच्या उदरगतीच्या प्रवासाक लागून कांय लोकांक आनी संस्थांक बरें दिसना असो हुस्को उक्तायतना उपराष्ट्रपती हांणी संवेदना आनी कथनां निर्माण करपाची प्रवृत्ती आसा अशें सांगलें. ह्या राश्ट्रविरोधी कथनांक निश्क्रीय करपाची आनी भारताक दुस्मानपण आशिल्ल्या त्या शक्तींक हारोवपाची सत्ता तुमच्या हातांत आसा अशें तांणी तरणाट्यांक आवाहन करून सांगलें.

- भारतीय हवामान खात्यान बिहार, ओडिशा, आसाम, मेघालय, पंजाब, हरियाणा आनी चंडीगढ वाठारानी आयज सकाळी आनी राती दाट धुकें पडपाचो अदमास उक्तायला. आयज राजस्थानाचेर एकसुरे सुवातेर वीज पडपा वांगडा गडगडपाचो अदमास आसा. फुडल्या दोन दिसांत अस्तंत हिमालय प्रदेशाचेर फाव तसो मध्यम पावस वा बर्फ पडपाचो अदमास उक्तायला. फुडल्या दोन दिसांत उत्तर अस्तंत भारतातल्या कांय वाठारांत हळुवार पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें भारतीय हवामान खात्यान सांगलां. फुडल्या 2-3 दिसांत देशांतल्या चडशा वाठारांनी उण्यांत उण्या तापमानांत व्हडलोसो बदल जावचो ना अशेय हवामान खात्यान कळीत केला.

- दादल्यांच्या टी-20 क्रिकेट खेळांत काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे खेळामैदानार जाल्ल्या माळेच्या पांचव्या आनी निमाण्या मॅचींत भारतान इंग्लंडा आड 150 धांवड्यांनी जैत मेळयलें आनी पांच मॅचींची माळ 4-1 अशी जिखली. भारतान 248 धांवड्यांची मोख इंग्लंड पंगदामुखार

दवरिल्ली. ही मोख गाठतना इंग्लीश पंगडाचे फक्त 10.3 शटकानी 97 धांवड्यो काडून सगळे गडे वगडायले. 55 धांवड्यो मारपी पंगडाचो सलामीवीर फिलीप सॉल्ट हो सगळ्यांत चड धावंड्यो कादपी आशिल्लो. भारता खातीर दुसरो मोहम्मद शमीन तीन विकेटी, वरुण चक्रवर्ती, शिवम दुबे आनी अभिषेक शर्मा हांणी दरेकीं दोन विकेटी आनी रवी बिश्नोईन एक विकेटी घेतली. ताचे आदीं फलंदाजी करतना भारतीय पंगडान थारायिल्ल्या 20 ओव्हरींनी 9 गडे वग़डायत 247 धांवड्यो केल्यो. अभिषेक शर्मान 54 बॉलांत 135 धांवड्यो मारत टी-20 खेळांत चडांत चड सके मारपी भारतीय म्हण विक्रम केलो.

- काल रातीं नेदर्लंडसाच्या विजक आन झी हांगा जाल्ल्या बुध्दिबळ खेळांत सध्याचो संवसारीक जैतिवंत गुकेश हाका हारोवन भारतीय ग्रॅण्डमास्टर प्रग्नाननधा हाणें टाटा स्टील मास्टर्स 2025 चें प्रतिश्ठीत खिताब जिखलें. ह्या जैताक लागून प्राग्नानंद हो 2006 वर्सा जिकील्ल्या विश्वनाथन आनंदा उपरांत हो प्रतिश्ठीत खिताब मेळोवपी पयलो भारतीय थरला.

- इंडियन सुपर लीग (आयएसएल) 2024-25 फुटबॉल सर्तीत जमशेदपूरच्या जेआरडी स्पोर्टस कॉम्प्लेक्सांत काल जाल्ल्या खेळांत जमशेदपूर फुटबॉल क्लबान फुटबॉल क्लब गोंयाक 3-1 असो हारोवन क्रमवारींत दुसरे सुवातेर पावलो. ह्या जैता उपरांत जमशेदपूर 34 गूण मेळोवन गुणतालिकेत दुसरे सुवातेर पावला जाल्यार गोंयचे 33 गूण जाल्यात. जमशेदपूर फुटबॉल क्लब आयतारा बेंगळुरू फुटबॉल क्लब आड खेळतले, जाल्यार फुटबॉल क्लब गोवा बिरेस्तारा ओडिशा फुटबॉल क्लब आड़ खेळतले.